आकाशवाणी पणजी
प्रादेशिक खबरा

Date :23 /04/2025 7.20 पीp m

मुखेल खबरो

गोंय पशुवैजकीय आनी विन्यन महाविद्यलाय खातीर फोण्या कुर्टी आनी कुळेची सुवात दीवपाच्या निर्णयाक आयज मंत्रीमंडळान मान्यताय दील्या.

जम्मू कश्मीरातल्या 26 गोंयकारांच्या संपर्कात गोंय सरकार अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आपल्या वाडदीसाच्यो सगळयो कार्यावळी रद्द केल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान आयज पर्वरे मंत्रालयात दील्या.

महसूल सचीव आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री संदीप जॅकीस हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत सरकारी खात्यांच्या अधिका-यांची बसका घेवन मान्सूनपूर्व तयारीच्या कामांचो आनी उपाय येवजणांचो नियाळ घेतलो.

पहलगाम कश्मीर जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभूंयेर 25 ते 27 एप्रिल मजगती जावपी काजू महोत्सव मुखार धुकल्लां

आता पुराय खबरो

गोंय पशुवैजकीय आनी विन्यन महाविद्यलाय खातीर फोण्या कुर्टीची 60 हजार चौखण मीटर आनी कुळेची लाख चौखण मीटर सुवात दीवपाच्या निर्णयाक आयज मंत्रीमंडळान मान्यताय दील्या. हे शिवाय चींबल हांगा प्रशासन स्तंभ बांदपाखातीर IT dept ची 25 हजार चौखण मीटर जागा goa administration dept. दीला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. म्हायती तंत्रज्ञान खात्याची चींबल हांगची 6250 चौखण मीटर जागा पर्यटन खात्याक दीवपाचो निर्णय आयज दीला.

जम्मू कश्मीरातल्या 26 गोंयकारांच्या संपर्कात गोंय सरकार अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. जाल्यार गोंयची तीन जोडपी आकांतवादी हल्ल्याच्या दीसा पहलगाम

आशील्ली,मात ती हल्ल्याच्या पयली थंयच्यान दुसरीकडे गेल्यान सुरक्षित आसात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीला.

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आपल्या वाडदीसाच्यो सगळयो कार्यावळी रद्द केल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान आयज पर्वरे मंत्रालयात दील्या. मात वाढदीसाच्या निमतान आयोजीत सेवा कार्यावळी जातल्यो अशे तांणी कळीत केला.वाढदीसाच्यो शुभेच्छा घेवपाक आपुण उपलब्ध आसचो ना अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.तशेंच ह्या हल्याचो गोय सरकारावतीन मुखेलमंत्र्या नीशेध केला.जे लोक आनी पर्यटक ह्या हल्ल्यात मरण पावल्यात तांका मुखेलमंत्र्यान आर्गा ओपल्या.

महसूल सचीव आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री संदीप जॅकीस हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत सरकारी खात्यांच्या अधिका-यांची बसका घेवन मान्सूनपूर्व तयारीच्या कामांचो आनी उपाय येवजणांचो नियाळ घेतलो. मॉन्सून हंगामात साबार आव्हानांक तोंड दिवचे पडटा. अशी आव्हानां कमी करपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी वेळार उपाय आनी तयारी करपाची गरज श्री. जॅकीस उक्तायली.मॉन्सूनाच्या काळांत गोंयांत निर्माण जावपी कसल्याय आपत्कालीन परिस्थितीक तोंड दिवपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी तयार रावपाची आनी कसल्याय आपत्तीच्या वेळार जीव तशेंच मालमत्ता वाचोवपा खातीर कर्मचाऱ्यांक आवश्यक प्रशिक्षण दिवन तयार दवरपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.सध्या गर्मीच्या त्रासापासून बचाव करपा खातीर उपाय आनी खबरदारी घेवपा बाबातीत लोकांमदी जागृताय करप, हॉस्पिटलांनी वीज पुरवण सुरळीत दवरप, उदका पुरवण सुरळीत दवरप, रान वाठारांनी उज्याच्यो घडणूको टाळपाखातीर उपाय करप, पार्क, अभयारण्य आनी रान वाठारांनी जनावरां खातीर पिवपाच्या उदकाची उपलब्धा पळोवप, शाळांनी पिवपाचे उदक उपलब्ध करप, सावळे खातीर शेड उबारप, मनरेगा आनी बांदकाम कामगारां खातीर कामाच्या थळार शेड उबारप, वृध्दाश्रमांनी आवश्यक उपाय करप अशां साबार विशयांचेर बसकेत चर्चा जाली. मॉन्सूनात पूर येवप, झाडां पडप, पालसणां कोसळवप ह्या सारख्या सैमीक आपत्तीच्यो घडणूको घडटाट. तशेंच चिऱ्याच्या खणींनी बुडपाच्यो घडटात. थंय आवश्यक उपाय करपाची गरज आसा. मोडपाक आयिल्ल्या लायटीच्या खांब्याचो सोद घेवन थंय नवीन खांबे घालपाची गरज आसा, अशों साबार आपत्तीच्यो घडणूको टाळपा कातीर आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणांनी 24X7 अशा तरेन सक्रिय रावपाक जाय, अशेंय श्री. जॅकीस हांणी सांगलें. दोनीय जिल्ह्यांनी आपत्ती वेवस्थापन नियंत्रण कक्ष स्थापन केल्ले आसात. श्री जॅकीस हांणी SACHET मोबाइल ॲप सुरू करपाचीय सूचोवणी केली.बसकेत नियंत्रण कक्षांचे कामकाज, पूर येवपाचे आनी पालसणां कोसळपाचे वाठांर, आपत्तीच्या वेळार स्थलांतरण येवजण आनी

स्मार्ट सिटीच्या कामांविशीं चर्चा जाली.महसूल खात्याचे जोड सचीव श्री सुरेंद्र नाईक हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांक येवकार दिलो. महसूल खात्याचे अवर सचीव श्री. संदीप गावडे हांणी आपत्तीच्या वेळार घेवपाच्या उपायांचेर सादरीकरण केले.

## राष्ट्रीय एमएसएमई पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात

भारत सरकाराच्या सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयान राष्ट्रीय एमएसएमई पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात. गोंय सरकारच्या उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालया खाला कार्यरत आशिल्ल्या सूक्ष्म आनी लघु उद्देगांनी ह्या पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाची विनंती केल्या. राज्यांत सूक्ष्म आनी ल्हान उद्देगांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर हे पुरस्कार दितात.

उत्पादन उद्देग, सेवा उद्देग, महिला, एससी /एसटी, दिव्यांग उद्देजक अशां गटांत पुरस्कार दितात. सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देगाक ग्राह्य उद्यम नोंदणी आसपाक जाय. पुरस्कार जैतिवंतांक राष्ट्रीय प्रमाणपत्र आनी 1 लाख ते 3 लाख रूपया मेरेन रोख ईनाम, मोठ्या उद्देगां कडेन वेव्हार करपाची संद मेळटली.
चड म्हायती खातीर https://dashboard.msme.gov.in/na/Ent_NA_Admin/Ent_NA_Ent.aspx चेर भेट दिवची. गोंय राज्यांतल्या सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देग ह्या म्हत्वाच्या पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाक प्रोत्साहन दितले. कसलीय समस्या आसल्यार एमएसएमई, विभागीय कचेरी, भारत सरकार, कोंकण रेल्वे स्टेशना सामकार, मडगांव गोंय 403601 (Ph. No. 0832-2705093/94, Email. dcdi-goa@dcmsme.gov.in) हांगा संपर्क करचो

पहलगाम कश्मीर जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभूंयेर 25 ते 27 एप्रिल मजगती जावपी काजू महोत्सव मुखार धुकल्लां. महोत्सवाची नवी तारीख बेगीनूच जाहीर करतले, अशी म्हायती आयोजकांनी दिल्या. *तिसरो काजू महोत्सव* 25, 26 आनी 27 एप्रिल हे तीन दीस पणजे दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर गोंय रान उदरगत महामंडळ आयोजीत करपाक आशिल्ले. पूण आयज म्हामंडळान कळोवणी काडून हो महोत्सव फुडे धुकल्ल्याचे जाहीर केलां.

कळोवणेंत म्हणलां, पहलगाम आतंकवादी हल्ल्यांत निष्पाप लोकांक मरण आयिल्ल्यांक आदरांजली म्हूण 25, 26 आनी 27 एप्रिलाक आयोजीत केल्लो गोवा काजू फेस्ट मुखार धुकल्लां. ह्या महोत्सवाच्यो नवो

तारख्यो बेगीनूच जाहीर करतले. मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबाक आमी काळजासावन सहानभुती दितात आनी ह्या दुखांच्या काळांत तांचे वांगडा उबे आसात.

दक्षीण गोंयांत 25 एप्रिल 2025 दिसा सकाळी 8.00 ते दनपारां 3.00 वरां मेरेन मुरगांव पोर्ट प्राधिकरण, गोवा शिपयार्ड, वाडे मैदान, आयओसीएल, एचपी टर्मिनल, बायणा बीच, चौगुले शिपयार्ड, फोंडा मामलेदार कार्यालय, मुर्डीबाग खांडेपार, नाकेरी बेतूल पंचायत हांगा दक्षीण गोंय जिल्हा आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणा वतीन चक्रीवादळ आपत्तीचेर मॉकड्रिल कवायत शिबीर आयोजीत करपात येतले. ह्या शिबिराच्या थळार संबंदीत यंत्रणांकडल्यान आपत्ती शिबीर कॅम्प, एम्बुलन्स सेवा, वैजकीय कर्मचारी आनी उपचार सुविधा, ट्रॉमा सेंटर/हॉस्पिटल आनी हेर संबंदीत सेवा आनी उपचारांचेर मॉकड्रिल कवायत करपात येतली. थळार पुलीस सुरक्षा आसतली. ही फक्त मॉक ड्रिल कवायत आशिल्ल्यान लोकांनी आकांत करचो न्हय आनी मॉक ड्रिल कवायतीखातीर संबंदीत यंत्रणांक सहकार्य करचे, अशें आवाहन केला.

गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्था, पर्वरी हांणी २०२४-२५ वर्साचो विज्ञान प्रज्ञाशोध शिश्यवृत्ती परिक्षेचो निकाल आयज जाहीर केला. ही परिक्षा १९ जानेवारी २०२५ दिसा राज्यांतल्या वेगवेगळया उच्च माध्यमीक शाळांनी शिकपी इकरावी आनी बारावी वर्गाच्या विज्ञान फाट्यांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर जाल्ली. हे प्राज्ञेशोध शिश्यवृत्ती परिक्षेंत पात्र थारिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी आपलें बँक खातें आनी तें विशींची सविस्तर म्हायती गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेक तांच्या पर्वरी कार्यालयांत सादर करची अशें ह्या संस्थेच्यो प्रशासकीय संचालक सरिता गडगिळ हांणी मांगला . . विज्ञान प्रज्ञा शोध शिश्यवृत्ती परिक्षेक पात्र थारिल्ल्या विद्यार्थ्यां विशीं म्हायती एससीईआरटी संकेतथळार उपलब्ध आसा अशेंय तांणी सांगलें.

मुरगाव बंदर प्राधिकारणंन आपल्या आस्थापनातल्या सांबार पदाखतिर अर्ज मागयळयात वारिष्ट उपसचिव उपमुखेळ अभियंता हरब्और मास्टर पशिक्षित पायलट हिन्दी अनुवादक आनी वकील ह्यापदाखतिर कंत्राटी पद्धतीचेर भरती करपाची आसा . ह्या सुवतीच्या चड महयती खातीर mpt goa . gov . in ह्या संकेतथराळ भेट दिवची अशे जाळवंदारनी मागला

राज्यांत फुडल्या 3 ते 4 दिसानी राज्यांतलें तापमान चडांत चड ३४ .ते३५ आंव सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४ 26 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास पणजी वेधशाळेन उत्कायला .२३एप्रिल तें २६ एप्रिल मजगतीं राज्यांतलें हवामान मान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार